# जागतिक होमियोपथी दीस मनयलो

ता. 16 एप्रिल 2025

गोंय राज्य आयुष सोसायटी, राष्ट्रीय आयुष मिशन, भलायकी सेवा संचालनालय हांणी गोंय होमिओपॅथी मंडळाच्या सहकार्यानें आयज पर्वरें सचिवालयांत आयोजीत कार्यक्रमात जागतिक होमिओपॅथी दीस मनयलो. ह्या वर्सा जागतिक होमिओपॅथी दीसाची संकल्पना 'होमिओपॅथीन शिक्षण, सराव आनी संशोधन' अशी आसा. दर वर्सा 10 एप्रिलाक संवसारांत होमिओपॅथीचे जनक डॉ. सॅम्युअल हॅनिमन हांच्या जयंती निमतान निमित्त होमिओपॅथी दीस मनोवपात येता.

भलायकी सचीव श्री अरुण कुमार मिश्रा हांणी कार्यक्रमात उलयतना, होमिओपॅथिक वैजकीय प्रणाली 200 वर्सां पयली जर्मनीत विकसित जाली. ती दोन अपारंपरिक सिद्धांतांचेर आदारीत आसा. Like cures like - निरोगी मनशामदी समान लक्षणां निर्माण करपी घटकां वरवीं रोग बरो जावपाक शकता ही होमिओपॅथिची धारणा आसा. होमिओपॅथी ही उपचारांची एक सैमीक आनी सुरक्षीत पद्दत आसून लोकांचो ह्या उपचार पद्दतीचेर विस्वास आसा, अशें तांणी सांगलें.

कार्यक्रमाच्यो मुखेल उलोवपी डॉ. अमृता हेदे हांणी 'होमिओपॅथीतली प्रगत उपचार पद्धत' ह्या विषयाचेर व्याख्यान दिले.

निवृत्त उप संचालक (आयुष) डॉ.दत्ता भट, जोड संचालक डॉ. शेखर वासुदेव शेट्ये आनी डॉ. श्वेता गांधी हांचो ह्या वेळार सत्कार जालो.

भलायकी सेवा संचालक डॉ.रुपा नाईक, नोडल अधिकारी डॉ.महेश वेर्लेकर, गोंय होमिओपॅथी मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. बिपिन साळकर, डॉ. हनुमंत राम, आयुषच्यो उपसंचालक डॉ. मीनल जोशी आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

मंडळाचे सचीव डॉ. राजेंद्र काणेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. .

कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन श्री उमेश खोलकर हांणी केले जाल्यार डॉ. विद्या मळीक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/361

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.